# कला अकादमीत संगीत नाटक महोत्सव

ता. 22 फेब्रूवारी 2018
3 फाल्गून 1939

कला अकादमीचो 19 वो संगीत नाटक महोत्सव ता. 23 फेब्रूवारी ते 2 मार्च 2018 मेरेन कला अकादमीच्या दिनानाथ मंगेशकर कला मंदिरात जातलो. महोत्सवाचे उक्तावण फाल्या ता. 23 फेब्रूवारी दिसा सांजेच्या 7.00 वरांचेर कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तूकीं जातले. ह्या वर्साचो नाटक महोत्सव संगीत नाटक मळावयली नामनेची गोंयची कलावंत सर्गेस्त श्रीमती किशोरीताई हळदणकर हांच्या यादीक समर्पित केला.